१०-११-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो

Ironman – 180

sun sand sea बरोबर आता गोंय राज्य खेळाचे केंद्र जावपाक लागला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. आयरनमन ७०.३ गोवा भारताची पांचव्या आवृत्तीचे उक्तावण काल मिरामार दर्यादेगेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले. ironman सर्तीन गोंयाक खेळामळाच्या बाबतीन जागतीक पावंड्यार पावयला. ironman म्हणल्यार ही फकत सर्त न्ही जाल्यार तो fitnessक उर्बा दीवपी उपक्रम अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

CM Byte – 41 secs

ह्या सर्तीत अंदु ३3 देशांतल्या सुमार 1270 triathletesनि वाटो घेतलो. ह्यावेळार नामनेची बॉलिव्हुड अभिनेत्री सयामी खेर, आयनमेन सर्तीच संस्थापक दिपक राज, तशेंच वेवसायिक अजय खन्ना ,गोय पर्यटन खात्याचे संचालक केदार नायक तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशीलले.

ह्या सर्तीत 1.9 km स्वीमीन्ग, 21.1 km धावप आनी 90 km सायकलिंगाचो आस्पाव जाता.

गोंय राज्य आता खेळांच्या सर्तींच्या आयोजना खातीर  केंद्र जावपाक लागला अशे ironman चे भारतीय आवृत्ताचे संस्थापक दीपक राज हांणी म्हळां.

दादल्यांच्या गटात उझबेकिस्तानच्या Konstantin Belousovन 4:25:47 सर्त पुराय करून जैत मेळयलें जाल्यार बायलांच्या गटात ब्रिटनच्या एली गॅरेटान 5:18:43 सर्त पुराय करून खिताब जिखलें.

एसआयआर १००

मतदारांच्या पडताळणे खातीर सुरू आशिल्ले मोहीमे खाला बीएलओनी लागी लागी 90 टक्के मतदारामेरेन अर्ज पावयल्यात. आयज सावन अर्ज घेवपाक सुरवात जातली. उत्तर गोंय तशेच दक्षिण गोंयच्या जिल्होधिकाऱ्यांनी ही म्हायती दिली. उत्तर गोयांत 6 लाखा परस चड मतदारांमेरेन अर्ज पावल्यात, अशें जिल्होधिकारी अंकीत यादव हांणी सांगलें. दक्षिण गोंयांत 6 लाख 9 हजार 435 मतदारांमेरेन अर्ज पावल्यात, अशें जिल्होधिकारी एग्ना क्लेटस हांणी सांगलें. सप्तका भीतर 90 टक्के परस चड मतदारां मेरेन अर्ज पावल्या. आता अर्ज घेवपाची प्रक्रीया सुरू जातली. अर्ज भरपाक कळाव लागता. हाका लागून अर्ज घेवपाक लेगित कळाव जातलो. मतदारांच्या पडताळणी मोहीमे खाला बुथ पावंड्या वेले अधिकाऱ्यांनी (बीएलओ) घरांघरांनी भेटी दिवन मतदारांची गणना सुरू केल्या. बीएलओ दरेकी घरांत वचून मतदारांक अर्ज दितात. हे खातीर एक म्हयन्याचो प्राज आसा.

Subhash - 110

गोंय पर्यटन खात्यान राज्यभर इंटिग्रेटेड फूड अँड बेव्हरेज सुविधांचें जाळें स्थापन करपाची येवजण जाहीर केल्या. भौशीक-खाजगी भागीदारी येवजणें वरवीं हो प्रकल्प चालीक लागतलो. ह्या संदर्भात सुवातो पळोवप वा तत्सम कामां सुरु जाल्यांत. पयल्या टप्प्याच्या उदरगती खातीर कोलवा हांगा 400 चौखण मिटर जमनीचो प्लॉट आनी पणजेच्या मळा हांगा आनीक 400 चौखण मिटर सुवात निश्चित केल्या. हे दर एका हबांत खाणां-जेवणाचे हॉल, मजत कक्ष, भायल्यान बसपाची सुवात आसतली अशें खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें. रचना पर्यावरण-अनुकूल आसतली आनी पर्यावरणाच्या सगळ्या नेमांक पाळो दितली.

खानावळ मालकाक जेवण आनी बसपा खातीर स्वताचे दर थारावपाक मेळटले, आनी तांच्या विक्री आनी कार्यावळींचे डिजिटल रेकॉर्ड दवरचे पडटले. दरेका प्रकल्पाक 15 वर्सांचो परवानो दितले, जो आनीक 15 वर्सां खातीर परतून नवीन करूं येता.

Weather – 90

नोव्हेंबरांत शिंयाच्या दिसांक ल्हवू ल्हवू सुरवात जाल्या. गोंयांत फुडले चार दीस वातावरण सुके उरून दाट धुकें पातळपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण, गोंयांत चडांत चड तापमान खूब प्रमाणांत

देंवलां. गोय वेधशाळेन नोंद केल्ल्या  प्रमाण आज पणजे चडांत चड तापमान 32.6 डिग्री सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान 22.5 डिग्री सेल्सियस जाल्यार मुरगावा चडांत चड तापमान 31.2 डिग्री सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान 23.6 डिग्री सेल्सियस इतले नोंद जाला.

**गोंय बुध्दिबळ संवसारीक कप सर्त - ७०**

गोंय बुध्दिबळ संवसारीक कप सर्तीत ग्रँडमास्टर कार्तिक वेंकटरमनान ग्रँडमास्टर बोगदान-डॅनियल डेकाक टायब्रेकरांत हारोवन चवथ्या फेरयेंत सुवात निश्चित केल्या.विदित गुजराती आनी नारायणन एसएल हांका तांचे टायब्रेकर फेरयेत हार खावची पडली. विदिताक शँकलँडान टायब्रेकरात हारयले. डी. गुकेश आनी अरविंद चिथंबरम हांच्या उपरांत ह्या सर्तीतल्यान बेगिन भायर पडपी विदित तिसरो भारतीय खेळगडो आसा. अर्जुन एरिगॅसी, आर. प्रज्ञानंद, पी. हरिकृष्ण आनी संवसारीक ज्युनियर चॅम्पियन व्ही. प्रणव हांणी हे आदीच चौथ्या फेरीखातीर पात्रताय मेळयल्या.